भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी



# दोन फावटीं जियेल्ली चली

बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Janie Forest
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

जैरस, एक ज्यू धर्मगुरू, देवाची आराधना आनी देवाचें उतर दुसऱ्यांक शिकयतालो. एक दीस ताचेर भिरांकूळ संकश्ट आयलो. फकत बारा वर्सां पिरायेची ताची मोगाळ धूव दुयेंत पडली. तिका कोणूच मजत करूंक शकना अशें दिसतालें. वायट दुयेंस आशिल्लें. ती चली मरत आसा हें जैरसाक कळळें.



जैरसाच्या चलयेक फकत एक मनिस मजत करपाक शकता. जेजूक सोदपाक आनी ताका परत आपल्या घरा हाडपाक जैरस भायर सरलो. ताच्या धर्मीक इश्टांक जेजूक मान्यताय दिवंक ना हें जॅरसाक खबर



आसलें आसतलें. पूण जैरसाक कांयच पडलें ना. ताची धूव मरचे पयलीं ताका बेगीन मदत घेवची आसली.



जेजू लोकांचे गर्दीक भरिल्लो जैरसाक मेळ्ळो.

तो जेजूच्या पांयांक गुडघे टेकलो. “म्हजी ल्हान धूव मरणाच्या पांवड्यार पडल्या” त्या निराश मनशान विनवणी केली. “ये आनी तिचेर हात घाल, ती बरी जावंक, आनी ती जिवी जातली.”



जेजू जैरसा वांगडा गेलो. पूण व्हड गर्दीक लागून ते बेगीन हालूंक शकले नात. एक बायल बारा लांब वर्सां खूब दुयेंत आशिल्ली. ती सगळया दोतोरां कडेन गेल्ली (आनी सगळे पयशे खर्च केल्ले) मदत मेळनासतना. आह, तिका जेजूक पळोवपाची कशी इत्सा जाली!



बायलेक कितें करूं येतालें? “ताच्या कपड्यांक हात लायलो जाल्यार हांव बरी जातलीं” त्या बायलेन गुंगयलें. तिणें जेजू कडेन वचपाक केले. मागीर हात वाडोवन तिणें जेजूच्या वस्त्राक हात लायलो.



एक चमत्कार! एक चमत्कार! ती बायल बरी जाली. तत्काळ! पुरायेन! ती बरी आनी बळिश्ट आनी पुराय जाली हें तिका कळ्ळें. पूण मागीर एक आवाज उलयलो. “म्हाका कोणे हात लायलो?” जेजून विचारलें. गर्देन ताका हात लायिल्लो. पूण बरे जाल्ल्या बायलेक कळ्ळें की तिणें ताका हे विशीं सांगचें आसा. भिरांकूळपणान तिणें ताका आपली सगळी काणी सांगली.

तेन्नाच जैरसाच्या घरांतल्यान नोकर आयले. उलोवचे पयलीं तांच्या तोंडांनी दुख्खाची काणी सांगिल्ली आसतली. “तुजी धूव मेली!” तांणी जैरसाक सांगलें.

मेली! ताका खूब उसरां जाल्ली. घडये, त्या बायलेन गजालींक कळाव केल्लो नासलो जाल्यार ....घडये, जर ... मेली! जैरसाची मोलादीक ल्हान चली गेल्ली.





जेजून तें आयकून जाप
दिली, “भियेवंक नाका,
फकत विस्वास दवरात
आनी ती बरी जातली.”
जेजूचेर खऱ्यांनीच विस्वास
दवरप जैरसाक कितलें
कठीण जाल्लें आसूंक जाय.
ताची धूव मेल्ली.

घरांत सगळे रडले आनी चलये खातीर शोक करताले.
“ती मेली ना, पूण न्हिदल्या” जेजून तांकां सांगलें.
ताचेर ते हांसले. ती चली मेल्ली हें तांकां कळ्ळें.



जेजून तांका सगळ्यांक भायर काडले, चलयेचो हात धरून म्हणलें, “ल्हान चलये, उठ.” जैरस थंय आशिल्लो. ताची बायल थंय आशिल्ली. जेजूचे तीन शिश्य थंय आशिल्ले. तांणी सगळ्यांनी जेजूचीं उतरां आयकलीं. ल्हान मेल्ली चलीय तीं आयकतलीं काय?



मेल्ल्या चलयेन
जेजूची आदन्या
आयकली! तिचो
आत्मो परतलो
आनी ती
रोखडीच उठली.
जेजून तिका
मेल्ल्यांतल्यान
जिवंत केल्ली.



चलयेच्या आवय-बापायक अजाप जालें. जेजून तांकां सांगलें, त्या चलयेक कितें तरी खावपाक दिवचें. तांकां कितली खोशी जाल्ली आसतली; जेजूक कितली उपकारी. ताच्या अद्‌भुत मोगान आनी शक्तीन तांच्या चलयेक मरणांतल्यान
परत हाडली.



# दोन फावटीं जियेल्ली चली

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

मार्क ५, लुकास ८

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16